# गोठो सजावट सर्तीचो निकाल

ता. 2 जानेवारी 2019
12 पौष 1940

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमितान संस्था आनी पंगड गटाखांतीर आयोजित केल्ल्या राज्य पातळीवयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला. सर्तीचे पयले 25,000/-रूपयांचे बक्षिस सेंट मदर तेरेझा समुदाय, फोंडा, दुसरे बक्षिस 20,000/-रूपयांचे वालांकिणी बॉयज दवंडे, मडगांव आनी तिसरे बक्षिस 15,000/- रूपयांचे अवर लेडी ऑफ व्हिटरी चर्च, रेवोडा हांका फावो जाला. वायडोंगर युथ वायडोंगर मांद्रे, सांताक्रुज बॉयज् नागोवा, सालसेत, कापूची ब्रदर्स अँण्ड बॉर्डस्, आलवेरनो फ्रियारी, मोंत द गिरी, अवर लेडी ऑफ रेमिडिएस चॅपेल, रायबंदर आनी कॅनरीच व्हिएगस अँण्ड ग्रुप, हॉटेल शॅल टॉप, ताळगांव हांका उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7000/-रूपयाचे बक्षिस फावो जाला.

वैयक्तीक/घरगुती वर्गात पयले बक्षिस 15,000/-रूपयांचे ग्लॅन जुझे फर्नांडिस, कस्टम क्वॉर्टस्, बायंगिणी, ओल्ड गोवा, दुसरे बक्षिस 10,000/-रूपयांचे आलेक्स एस.रॉड्रीग्स, बाग बोंदिर तुयें-पेडणे आनी तिसरे बक्षिस 7,500/-रूपयाचे लेडीसलांव आरमांदो रॉंकोन, कांपाल-पणजी हांका फावो जाला. रिचर्ड् कालदेरा, फोंडा, साबिनो रॉड्रीग्स, पार्से-पेडणे, आबिगेल लोबो, पर्वरी, मिनिनो पेरेरा, नागोवा-सालसेत, ऑड्री जे. कुलासो, फातोर्डा हांका उमेद वाडोवपी बक्षिस प्रत्येकी 5000/-रूपयांचे फावो जाला.

गोठो सजावट सर्तीत संस्था-पंगड गटात 20 पंगड जाल्यार वैयक्तीक/घरगुती गटात 38 जाणांनी सर्तीत भाग घेतलेलो. फादर मायरन सिक्वेरा, श्री. फिवन क्रुज आनी श्री. रेयन आब्रु हांणी सर्तीचे परीक्षण केले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2019/05